# प्रादेशिक खबरो

१२.११.२०२५ @ ७.२० pm

- भौशिक बांधकाम खाते,उदकास्तोत खाते, पिवपा च्या उदकाचे खाते, तशेंच वीज खात्याचे मुख्य अभियंताक 62 वर्सा मेरेन पिराय वाड दीवपाचो निर्णय आयज जाल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत दीला.
- गोवा कोंकणी अकादेमीन वित्तीय वर्सा 2025-26 खातीर वेगवेगल्यो येवजण जाहीर केल्या
- कामाच्या सुवातेर बायलांचो लैंगीक छळ (प्रतिबंध, मनाय आनी निवारण) कायदो, 2013 च्या फाटभुयेर अंतर्गत समिती स्थापन आनी पालन करून उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या संबंदीत जिल्लो अधिकाऱ्यांक अहवाल सादर करपाक निर्देश दिल्या

भौशिक बांधकाम खाते,उदकास्तोत खाते, पिवपिच्या उदकाचे खाते, तशेंच वीज खात्याचे मुख्य अभियंताक 62 वर्सा मेरेन पिराय वाड दीवपाचो निर्णय आयज जाल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत दीला.मात हि वाढ जर ह्या पात्र उमेदवार मेळुंक ना जाल्यारूच दीतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

हे शिवाय कामाच्या जापसालदारकि प्रमाण तात्पुरत्या स्वरूपान घेतील्ल्याक 6th pay scale लागु करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. 2017 मेरेन कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपी म्हा,निम सरकारी मंडळ हांका भविश्य निर्वाह नीधी दीवपाचे थारायला.सुमार 7 हजार अशा कामगारांक प्रत्यकी 1500 रूपया प्रमाण म्हयन्याक पीएफ दीतले.हाका लागुन 2-3 कोटी रूपया खर्च येतलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

आयच्या मत्रिमंडळाच्या बसकेत directorate of forensic science 70 कर्मचारी भरती करपाचो निर्णय जाला. तशेंच goa renewable energy development क आता कंपनी करपाचो निर्णय ह्या बसकेत जाला.हे शिवाय कुर्टी तशेंच कोडार सरकारी पशुचिकीत्सा म्हाविद्यालयाखातीर सरकारी मालकीची सुवात दीवपाचो निर्णय जाला.BYTE LAND

गोंयकाराच्या DNA वेवसायिक वृत्ती आसा,मात कालांतरान आति बारीक सारीक कामांखातीर आता दुसऱ्यांचेर निंबुन रावपाची सवय आमका जाल्या.हाका लागुन वेगवेगळया मळार संद आसुन लेगीत गोंयकारांक ह्या संदेचो लाव मेळना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते मुखेलमंत्री स्वंयरोजगार येवजणेच्या सुधारीत आवृत्तीच्या अनावरणा वेळार उलयताले.
ह्या येवजणेवरवी कमी व्याजाचेर तशेंच हमी नासतना गोंय अर्थिक उदरगत म्हामंडळ रीण दीता. तरणाट्यांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. ही येवजण नवे उद्देजक घडोवपाचे एक नवे पर्व सुरू करतले असो आत्मविश्वास तांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.तरणाटे,बायला तशेंच आप मजत गटांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे तांणी म्हणला.

ह्यावेळार उलयतना सुनील पै आंगले हांणी गोंयचो EDI model देशातल्या हेर राज्यांनी देख दीवपासारखे थारला अशी म्हायती दील्या.गोंयच्या लघु तशेंच हेर उद्देजकांक मार्गदर्शन करपाक ,नवे उद्देजक तयार करपाच्या नदरेतल्यान फाटल्या 20 म्हयन्याच्यान काम करता अशी म्हायती दीली. म्हाविद्यालयांनी शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यातल्या वेवसायीक घडचे म्हण EDI वरवी 150 प्राध्यापकांक उद्योजकता प्रशिक्षण दीतले.हे प्राध्यापक विद्यार्थ्यांक वेवसायीक कशे जावप ते नदरेतल्यान मार्गदर्शन करतले अहमदाबाद हांगा EDI प्रशिक्षण दीतले अशी म्हायती ईडीसीचे वेवस्थापकीय संचालक बी.एस पै आंगले हांणी दील्या.
गोंय अर्थिक उदरगत म्हामंडळ इमारतीत जाल्ल्या ह्या कार्यावळीक उद्देग खात्याचे सचीव संतोश सुखदेवा, संचालक आश्वीन चंद्रु तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

गोवा कोंकणी अकादेमीन वित्तीय वर्सा 2025-26 खातीर वेगवेगल्यो येवजण जाहीर केल्या, तातूंत लोकगीत संशोधन फेलोशिप (संशोधनासाठी २०,०००/- रुपये), लोकगीत अभ्यास प्रकल्प/दस्तऐवज आणि संशोधना खातीर ५०,०००/- रुपया क्लॅरिसा वाज ए मोरेनास कोकणी संशोधन फेलोशिप ३०,०००/- रुपया अशा योजनांखातीर इत्सुक लेखक आणि संशोधकांकडच्यान अर्ज मागय्ल्यात. येवजण्यां खातीर अर्ज गोवा कोंकणी अकादेमी कार्यालयात आसात आणि अर्ज धाडपाची निमाणी तारीक 21 नोव्हेंबर आसा

कामाच्या सुवातेर बायलांचो लैंगीक छळ (प्रतिबंध, मनाय आनी निवारण) कायदो, 2013 च्या फाटभुयेर, बायलां आनी भुरगी  विकास खात्यान दरेका जिल्ह्यांतल्या सगळया भौशीक आनी खाजगी कार्यालयांक, संघटनांक, उपक्रमांक, उद्देगीक आस्थापनांक, शिक्षणीक संस्थांक, खाजगी क्षेत्रांतल्या संघटनांक, हॉस्पिटलांनी, खेळां संस्थांक, पयली स्थापन जावंक ना जाल्यार, अंतर्गत समिती स्थापन आनी ताचे पालन करून उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या संबंदीत जिल्लो अधिकाऱ्यांक अहवाल सादर करपाक निर्देश दिल्या.भौशीक आनी खाजगी संस्थांनी नोडल अधिकारी आनी अंतर्गत समित्यांची गरजेची म्हायती बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान स्थापन केल्ल्या शी-बॉक्स पोर्टलाचेर अपलोड करची आनी पालन अहवाल कळाव करिनासतना संबंदीत जिल्लो अधिकाऱ्यांक सादर करचो. हो कायदो 1997 वर्सा विशाखा आड महाराष्ट्र राज्य ह्या प्रकरणांत सर्वोच्च न्यायालयाच्या म्हत्वाच्या निर्णयांत थारायिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचेर आदारीत आसा.हातूंतल्यान बायलांक सुरक्षीत कामाचे वातावरण सुनिश्चीत जाता आनी बायलांक तांच्या कामाच्या सुवातेर खंयच्याय प्रकारच्या लैंगीक छळा पसून राखण मेळटा आनी छळाच्यो  खंयच्योय कागाळी सुटावी जाता.

गोंयांत १ जानेवारी ते ३ नोव्हेंबर मजगतीं सुमार १९४२ अपघातांची नोंद जाल्या. तातुंतले चडशे  अपघात अतिवेगान, सोरो पियेवन वाहन चलोवप आनी वा निश्काळजीपणान वाहन चलयिल्ल्यान जाल्यात.

गोंय येरादारी पुलिसांच्या अधिकृत आकडेवारी प्रमाण, जानेवारी ते ऑक्टोबर २०२५ मजगतीं राज्यांत २०५ घातकी अपघातांची नोंद जाल्या. तातूंत २१२ जाणांक मरण आयलें. फाटल्या वर्सा ह्याच काळांत जाल्ल्या २२९ घातकी अपघातां परस ते मात्शे उणे आसात. फाटल्या वर्सा २४१ जणांक मरण आयिल्लें. गंभीर अपघातांचो आंकडो फाटल्या वर्सा १५१ वेल्यान अंदूं १८९ मेरेन वाडला. आनी ताची खरसाण ही गंभीर चिंतेची गजाल जाल्या.. दुचाकी अपघातांचोय आंकडो वाडटा. अपघात नियंत्रणांत हाडपा खातीर विवीध पद्धतीन यत्न सुरू आशिल्ल्याचें पुलिसांनी सांगलें.

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या उत्तर गोंय जिल्हो पांवड्यावेल्या ‘सरदार @ 150 एकता दौड” हे पदयात्रेक  आयज पणजेंत पाचवो बावटो दाखयलो. वेगवेगळया शिक्षणीक संस्थांनी आनी एनएसएस विभागांतल्या विद्यार्थ्यांनी पणजेच्या आझाद मैदानार एकता दौड सुरू केली  आनी मिरामार सर्कल हांगा पदयात्रा सोंपली. विद्यार्थ्यांक आत्मनिर्भर भारताचो सोपूत दिलो तशेंच विद्यार्थ्यांनी वंदे मातरम् गीत गायले. ह्या काऱ्यक्रमाचे मुखेल सोयरे उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीचे अध्यक्ष धाकू मडकयकार

आशिल्ले. खेळां सचीव संतोष सुखदेव , सहाय्यक संचालक दिनेश देसाय आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या आदर्श आनी मुल्यां प्रमाण एक बरो समाज, घटमूट आनी एकवटीत राष्ट्र उबारणी खातीर ताणी विद्यार्थ्यांक आवाहन केलें.सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या कामगिरीचो उगडास करून मडकयकार हांणी, जिणेंत येस मेळोवपा खातीर ह्या व्हड फुडाऱ्याच्या तत्वांक पाळो दिवचो अशे म्हणलें. 'भारताचे लोह पुरुष म्हण वळख निर्माण केल्या सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या १५०व्या वाडदिसा निमतान आयोजीत केल्ल्या एकता पदयात्राचो हेत म्हळयार राश्ट्रीय एकचार आनी राष्ट्रनिर्माण वाडोवप आनी नागरिकां मदीं खास करून तरणाट्यां मदीं नागरी जापसालदारकेची भावना निर्माण करप आसा

कारखानो आनी बॉयलर निरिक्षकानी  पणजेत "धोकादायक प्रक्रिया उद्देगांत काम करपी देखरेख कर्मचाऱ्यां खातीर सुरक्षीतताय आनी भलायके विशीं चार सप्तकांचो प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम" घडोवन हाडला. कारखाने आनी बाश्पक खात्याचे मुख्य निरिक्षक अनंत पंगम हांणी कारखानो कायदो, 1948 च्या कलम 41 सी खाला थारायल्यो तरतुदी पुराय करपा खातीर अभ्यासक्रमाचें म्हत्व उत्तायलें. पात्र व्यक्तींची गरज लक्षांत दवरून, खातें अशे अभ्यासक्रम घडोवन हाडटा, जाका लागून देखरेख करप्यांक सुरक्षीत प्रणाली आनी कार्यपद्दती विशीं अंतर्दृष्टी मेळोवपाची संद मेळटली

दुरुस्ती योग्यता  निर्देशांकां वरवी  गिरायकांक सक्षम करपा खातीर सरकारान लोगो डिझायन सर्त जाहीर केल्या. देशभरांतल्या नागरिकां कडल्यान सृजनशील कल्पना एकठांय करप आनी व्यापक भौसाक हे मोहिमेंत वांटेकार करून घेवप हो ह्या उपक्रमाचो हेत अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलें. नोंदी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे मेरेन मायगॉव पोर्टलाचेर थारायिल्ल्या स्वरूपांत अपलोड करच्यो. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण जिखपी नोंदणीक 25 हजार रुपया रोख इनाम मेळटलें

मंगलारा गोयात जाल्या FIDE विश्वचषक २०२५ त चौथ्या फेरयेच्या पयल्या खेळात भारताच्या अव्वल ग्रँडमास्टर्सनी स्थिरता राखली. आर प्रज्ञानंद रशियाच्या डॅनिल दुबोव्ह आडच्या पराभवातल्यान वाटावलो आनी डाव बरोबरीत सुटलो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.6  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान  20.6  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले आनी धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला